**दक्षताय जागृताय सप्तक**

ता. 23 ऑक्टोबर 2023

दक्षताय संचालनालया वतीन ता. 30 ऑक्टोबर ते 5 नोव्हेंबर 2023 मेरेन दक्षताय जागृताय सप्तक पाळपात येतले. "भ्रश्टाचाराक ना म्हणात, राष्ट्राप्रती बांदिल रावात" अशीं ह्या वर्साच्या दक्षताय जागृताय सप्तकाची संकल्पना आसा. सप्तकाच्या काळात सरकारी खातीं आनी आस्थांपनांनी कर्मचारी भ्रश्टाचाराआड लडपाचो सोपूत घेतले. तशेंच सप्तकभर भ्रश्टाचाराआड जागृताय कार्यक्रम, चर्चासत्रां आनी सर्तींचें आयोजन करपात येतले.

तशेंच 31 ऑक्टोबर 2023 दिसा राष्ट्रीय एकता दीस पाळपात येतलो. सर्गेस्त सरदार वल्लभभाई पटेल हांच्या जयंती दिसा राष्ट्रीय एकता दीस पाळपात येता. राष्ट्रीय एकता दिसानिमतान सरकारी खातीं आनी आस्थांपनातले कर्मचारी राष्ट्रीय एकता दिसाचो सोपूत घेतले.
म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/831

-

-

--

-------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity


Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.